गोंयांत 'माय भारत' शाखेचें उक्तावण

ता. 5 नोव्हेंबर 2026

गोंय राज्यातल्या पयल्या 'माय भारत' शाखेचे उक्तावण राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेट तनावाडे हांच्या उपस्थितीत काल बांबोळी हांगाच्या परिचारीका शिक्षण संस्थेत जाले.

हया वेळार उपस्थितांमदी परिचारीका शिक्षण संस्थेचे प्राचार्य डॉ. विल्सन एन. फर्नांडिस, माय भारत, उत्तर गोंय जिल्हा युवा अधिकारी श्री सम्यक मेश्राम हांचो आस्पाव आशिल्लो.

विकसीत भारत युवा संसद कार्यक्रम “एक राष्ट्र, एक वेंचणूक” हया संकल्पनेचेर आयोजीत केल्लो. माय भारत अभियाना वरवीं राबोवपात येवपी स्वयंसेवा, नेतृत्व विकास, अणभवात्मक शिक्षण, सामुदायिक सहभाग आनी विवीध राष्ट्रउभारणीच्या उपक्रमांमदी विद्यार्थ्यांच्या सहभागाक प्रोत्साहन दिवप हो हया उपक्रमाचो उद्देश आसा.

हया उपक्रमाचो एक भाग म्हणून बांबोळी हांगाच्या परिचारीका शिक्षण संस्थेच्यो फ्लॅविना मारिया डिसोझा, मॅन्युएला रीना फर्नांडिस, कौशिक शैलेश नाईक, उदय किशोर शेट्ये, साहिबा खान, लवाश संदीप सांखळकर, ब्लेन व्हेनिटा आल्मेदा, खुशबू अब्दुल शेख, जोनेझा पिंटो आनी ओवैस हसन वार हया धा विद्यार्थ्यांची संस्थेचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर आनी'माय भारत' उपक्रमांत युवकांच्या सहभागाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर 'माय भारत' ब्रँड ॲम्बेसेडर म्हणून निवड केल्या.

हया उपक्रमा खातीर श्रीमती मारिया डी जीसस गुइलहेर्मिना फेर्राव हांची माय भारत नोडल अधिकारी म्हणून नेमणूक केल्या.

श्री सम्यक मेश्राम हांणी शिक्षणीक संस्थांनी 'माय भारत' शाखा सुरू करपा फाटलो उद्देश सांगलो. तांणी ब्रँड ॲम्बेसेडर म्हूण निवड केल्ल्या विद्यार्थ्यांक 'माय भारत' संकल्पनेचो प्रचार करपाक आनी विद्यार्थ्यांक शाखेच्या उपक्रमांनी वाटो घेवपाक प्रोत्साहित करपाक सांगलें.

गोंयांत पयल्या 'माय भारत' शाखेची स्थापणूक ही संस्थेच्या उपक्रमांनी युवकांचो सहभाग वाडोवपाक म्हत्वपूर्ण आसून राज्यातल्या हेर शिक्षणीक संस्थांनीय शाखा सुरू करपात येतल्यो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/719

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.